Regional 03.03.2025 at 7.20 pm

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

मुखेल खबरो

गोंय ग्रामीण उदरगत खात्यावरवी आयोजीत  सरस प्रदर्शन अंदु 6-16  मार्च ह्या काळात  जातले अशी म्हायती ग्रामीण उदरगत खात्याचे मंत्री गोविंद गावडे हांणी दील्या

केंद्रीय वखार म्हामंडळ आनी कोंकण रेल्वे म्हामंडळान सुमार ३० कोटी रुपया खर्च करून वेर्णा हांगा रेल्वे वेअरहाऊसाचें आयज आभासी पद्धतीन केंद्रीय वखार म्हामंडळाचे व्यवस्थापकीय संचालक संतोष सिन्हा हांचे हस्तुकी उक्तावण केलें.

गोय सरकारचे पर्यटन खाते आणि मडगाव नगरपालिका हांच्या जोड पालवान घडोवन हाडील्ली कार्निव्हाल चित्ररथ मिरवणूक मडगाव शारात वास्को हांगा सुरू जालया

विचारवंत, लेखक, स्वातंत्र्यसेनानी, आनी पद्मभूषण पुरस्कार जैतीवंत साहित्यीक रविंद्र केळेकार हांची जल्मशताद्बी वर्स मडगाव रवीन्द्र भवन मनयता

रश्मि 140

गोंय ग्रामीण उदरगत खात्यावरवी आयोजीत जावपी सरस प्रदर्शन अंदु 6-16 मार्च ह्या काळात पणजे कला अकादमीच्या दर्या संगम वाठारात जातले अशी म्हायती ग्रामीण उदरगत खात्याचे मंत्री गोविंद गावडे हांणी दील्या.ह्या प्रदर्शनात गोयचे तशेंच गोयाभायले वेवसायीक वाटो घेतले ,जाल्यार सुमार 550 दालना ह्या प्रदर्शनात आसतली.हे शिवाय प्रदर्शनाच्या काळात सांजेची 7-ते राती 10 वरा मेरेन गोंयचे कलाकार सांस्कृतीक कार्यावळी सादर करतले अशे तांणी सांगले.प्रदर्शनाचे उक्तावण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी 6 मार्चाक सांजेच्या 6.30 वराचेर जातले अशे मंत्री गावडे हांणी ह्यावेळार कळीत केला. ह्या प्रदर्शनात एकाच दालनावेल्यान 2 हजार वा त्या परस चड रुपयाचे सामान घेतल्यार त्या गीऱ्हायकाक लकी कुपन मेळटले.जाल्यार ह्या लकी ड्रो वरवी 3 मोटरसायकली इनामा म्हण दवरल्यात अशी म्हायती गावडे हांणी दील्या.हे शिवाय 6 मार्चाक गोंयच्या goa state rural livihood mission च्या येवजणेचो लाव घेवन बरी वेवसाय करपी 10 बायलांक सरकार EV motorcycle दीतले अशी म्हायती ताणी दील्या.मजगती मुखेल मंत्री प्रमोद सावंत हाणी नवी दिल्लीत ऊर्जा आनी संसाधन संस्था टेरि क भेट दिवून संभाव्य सहकार्य खातीर आशिकाऱ्य वांगडा चर्चा केली.

रश्मि 55

गोंय कला आनी संस्कृती संचालनालय आनी गोवा मराठी पत्रकार संघाच्या जोडपालवान संसारीक बायल दीसाच्या फांटभुयेर 8 मार्चाक कल्पवृक्ष कन्येसाठी ह्या कार्यावळीचे आयोजन केला.ही कार्यावळ कला अकादमीत सांजेच्या 7.30 वराचेर सुरू जातली अशे आयोजकांनी कळीत केला. ज्येश्ठ  गीतकार जनकवी पी सावळाराम हांच्या गीतांचेर आधारीत सांगीतीक आनी नाट्यमय कार्यावळ ह्यावेळार जातली अशे आयोजकांनी कळीत केला.ही कार्यावळ विनाशुल्क आसतली.

सुशांत 200

केंद्रीय वखार म्हामंडळ आनी कोंकण रेल्वे म्हामंडळान सुमार ३० कोटी रुपया खर्च करून वेर्णा हांगा बांदिल्ल्या प्रशस्त रेल्वे वेअरहाऊसाचें आयज आभासी पद्धतीन केंद्रीय वखार म्हामंडळाचे व्यवस्थापकीय संचालक संतोष सिन्हा हांचे हस्तुकी उक्तावण केलें. आयज उतोर्डा हांगाच्या एका पाच नखेत्री हॉटेलांत हो दबाजो  जालो. ह्यावेळार  कोंकण रेल्वे म्हामंडळाचे मुखेल वेवस्थापकीय संचालक संतोष कुमार झा हाजीर आशिल्ले. ह्या वेअरहाऊसाचो गोंयांतल्या उद्देजकांक फायदो जातलो आनी ह्या वेअरहाऊसातल्यान स्पेशल रेल्वेंतल्यान मालाची येरादारी जातली देखून गोंयांतल्यान माल फक्त 24 वरांत मुंबयच्या जेएनपीटी बंदराक पावतलो अशी म्हायती झा हांणी दिली. ह्या वेअरहाऊसाखातीर शिमीट आनी साऱ्याच्या येरादारीक चड चालना मेळटली असे तांणी सांगलें. सुमार १५०० चौ.मी. इतल्या प्रशस्त वाठारांत हो गुदाव बांदला, आनी थंय बेगीनूच कंटेनर दुरुस्तीचें यार्डय सुरू जातलें. ही सुविधा मेळ्ळया उपरांत गोंयांतल्यान रेल्वेंतल्यान मालाची येरादारी उण्यांत उणी 25 टक्क्यांनी वाडटली असो अदमास झा हांणी केला. कोंकण रेल्वे बेगीनूच रत्नागिरींत कोल्ड स्टोरेज गुदाव बांदतले आनी गोंयांतल्यानय अशीच मागणी आयल्यार ती पुराय जातली अशें झा हांणी सांगलें.कोंकण रेल्वे मार्गाच्या 11 सुवातींनी अशे रेल्वे गुदाव बांदतले, जाचो फायदो कर्नाटक ते महाराष्ट्र मेरेनच्या उद्देगधंद्यांक जातलो. गोंयांतल्या उद्देजकांची मागणी वाडली जाल्यार तांकां गरजेच्यो सगळयो सुविधा दितले अशी आश्वासन

केंद्रीय वखार म्हामंडळाचे प्रादेशिक वेवस्थापक अजय जाडू हांणी दिली. ह्या वेळार कोकण रेल्वेचे आशुतोष श्रीवास्तव, जोसेफ जॉर्ज आनी आशा शेट्टी हाजीर आशिल्ले.

सुशांत 75

गोय सरकारचे पर्यटन खाते आणि मडगाव नगरपालिका हांच्या जोड पालवान घडोवन हाडील्ली कार्निव्हाल चित्ररथ मिरवणूक मडगाव शारात सध्या चालू आसा. ही मिरवणूक पळोवक हजारांनी लोक जमल्यात. पारंपरिक आणि वेवसायिक अशा दोन गटातले चित्ररथ हे मिरवणूकेंत सामील जाल्यात. लोकांमदि उमेदिचे वातावरण पातल्ला .होली स्पिरीट चर्ची कडल्यान पर्यटन मंत्री रोहन खवंटे हाणी हे मिरवणूकेक सूरवात करून दिली. ह्या वेळार मडगावचे आमदार दिगंबर कामत, नावेलीचे आमदार उल्हास तुयेकार, कुडतरेचे आमदार ॲलेक्स रेजीनाल्ड लॉरेन्स तसेच मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार हाजिर आसले.

संतोष 85

गोंय पर्यटन खातें आनी वास्को कार्निवाल कमिटी हांच्या जोड पालवान घडोवन हाडिल्ल्या कार्निवाल मिरवणूकेक आयज सांजवेळा वास्को हांगा सुरवात जाली.वास्कोच्या सेंट ॲन्डू इगर्जे सामकार पंचायत मंत्री माविन गुदीनो हाणे बावटो दाखोवन मिरवणूकेक सुरवात केली. ह्यावेळार वास्कोचो आमदार दाजी साळकार, नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार, वास्को कार्निवाल समिती मुखेली फ्रांसीस डिसौझा आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. गोंय पर्यटन खात्याच्या देखाव्या फाटोफाट ट्राफीक पुलिस, भलायकी खातें आनी भारतीय नौदलाचो

देखावो पळोवपा सारखे आशिल्ले. आयच्या निरवणूकेंत पारंपारीक ६, संस्था १५, फॅमिली ५, पुरस्कृत ३, जंक कार १० अशे पंगड वाटेकार जाल्यात.

प्रसाद 190

फाटल्या 65 वर्सां सावन शिरशिरे बोरीच्या हुडगल मैदानांत सतत चलपी आद्यवाडी संस्थेची 65 वी श्री सत्यनारायण महापुजा आयोजीत केलली. ह्या वेळार जाल्या समारोप सुवाळयात मुखेल सोयरे म्हण शिक्षक विवेक पेंडसे, आद्यवाडी संस्थचे अध्यक्ष दिलीप गावडे, थळावे पंच वांगडी दुमिंग वाज, शिक्षक दिलीप नायक आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिलले. ह्या वेळार स्वामी विवेकानंद विद्या प्रसारक मंडळाचे वेवस्थापक मीनानाथ उपाध्ये, निवृत्त बालवाडी शिक्षक सुनीता सावकार आनी दिग्गज भजन कलाकार प्रेमानंद गावाडे हांचो मुखेल सोयऱ्यांच्या हस्तूकी भोवमान जालो. ह्या वेळार उलयतना अध्यक्ष दिलीप गावडे हांणी सगळयांक येवकार दिलो कोषाध्यक्ष सुशांत गावडे हांणी हाजीर आशिल्ल्या सोयऱ्यांची वळख करून दिली. मुखेल सोयऱ्यान संघटनेच्या वावराची तोखणाय केली खयचीय गजाल सुरू करप सोंपें पूण तें सतत चालू दवरप तितलेंच कठीण अशें म्हणले. बोरीच्या ह्या भागांतल्यान हो उत्सव व्हड उमेदीन मनयतात आनी दर वर्सा वेगवेगळे सांस्कृतीक कार्यावळी घडोवन हाडटात ह्या खातिर तांणी हे संस्थेची तोखणाय केली. सगळयांक एकठांय हाडून ही संस्था बरी मुखार वता.

थळाव्या नागरीकापैकी आनी वेगवेगळया कामा खातीर आपलें जिवीत ओंपल्ल्यांक मान दिवपा खातीर सुवाळो घडोवन हाडप ही एक बरी संकल्पना, आनी फुडाराकय वेगवेगळे कार्यावळी चालीक लावपाचें आवाहन तांणी संस्थेक

केलें. ह्या वेळार दिलीप नायक, दुमिंग वाज आनी हेरांनी उलोवप  केलें आनी सचीव वंदेश गावडे हांणी उपकार मानले.

सुशांत 200

विचारवंत, लेखक, स्वातंत्र्यसेनानी, आनी पद्मभूषण पुरस्कार जैतीवंत साहित्यीक रविंद्र केळेकार हांची जल्मशताब्दी वर्स मडगाव रवीन्द्र भवन मनयता. ह्याच कार्यावळीचो एक वांटा म्हूण रविंद्र भवनात तरणाटे लेखक युगांक नायक, पुरुषोत्तम वेर्लेकार आनी तन्वी कामत बांबोळकार हांकां रविंद्र केळेकार सर्जक पुरस्कार जाहीर केला. आयतारा 6 मार्चाक सांजवेळा 4 वरांचेर रवींद्र भवनाच्या परिशद सभाघरांत एक खाशेली कार्यावळ घडोवन हाडल्या, त्या वेळार वयल्या तरणाट्या लेखकांक हो पुरस्कार भेटयतले. ह्या पुरस्कारांत 11 हजार रुपया रोख आनी प्रमाणपत्र आसा. ही म्हायती रविंद्र भवनाचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक हांणी आयज मडगावात जाल्ले पत्रकार परिशदेंत दिली. ताचे वांगडा उपाध्यक्ष मनोहर बोरकार, आदले अध्यक्ष प्रशांत नायक, रविंद्र केळेकार ज्ञान मंदिराचे प्राचार्य अनंत अग्नि आनी रवीन्द्र भवनाचे कार्यकारी समिती वांगडी लक्ष्मण परब हांचो आस्पाव आशिल्लो.

ह्या शताब्दी उत्सवाचो एक भाग म्हूण 15 ते 35 वर्सां पिरायेच्या तरणाट्यां खातीर निबंद बरोवपाची सर्त घडोवन हाडल्या. हे सर्तींत 26 सर्तकांनी आपले निबंद जाहीर केल्यात. त्यो परिक्षे खातीर परिक्षकांक दिल्यात. निबंद सर्तींतल्या जैतिवंतांक आयतारा इनामां दितले. इनामां 7 हजार, 5 हजार आनी 3 हजार रुपया रोख इनामाच्या रुपांत आसात अशी म्हायती अनंत अग्नी हांणी दिली.

6 मार्चाक जावपी ह्या खाशेल्या कार्यावळींत मडगांवचे आमदार दिगंबर कामत मुखेल सोयरे आनी फातोर्डेचे आमदार विजय सरदेसाय हे मानाचे सोयरो आसतलो. ज्ञानपीठ पुरस्कार विजेते लेखक दामोदर मावजो ह्या सुवाळ्याचें अध्यक्षपद सांबाळटले, जाल्यार श्रीमती किरण बुडकुले ह्यो मुखेल उलोवपी म्हूण हाजीर आसतल्यो. सर्गेस्त रविंद्र केळेकार हाचे पूत गिरीश केळेकार हे ह्यावेळार हाजीर आसतले.

सुभाष 160

फोंडेंच्या श्री शारदा ग्रंथप्रसारक संस्थेन ओंदूची शारदा साहित्य पुरस्कार येवजण जाहीर केल्या. हे पुरस्कार दर दोन वर्सांनी दितात. शारदा साहित्य पुरस्कार २०२५ खातीर १ जानेवारी २०२३ ते २८फेब्रुवारी २०२५ ह्या काळांत उजवाडाक आयिल्ल्या वेगवेगळ्या प्रकारांचीं पुस्तकां लेखक आनी प्रकाशकां कडल्यान आफयल्यांत. हे पुरस्कार तीन विभागांनी दितले. पयलो विभाग : मराठी साहित्य विभागांत कादंबरी, कथा, कविता, चरित्रां आनी आत्मचरित्र, नाटक संग्रह वा एकांकिका, ललित निबंद, अणकार, शास्त्रीय साहित्य, संशोधन वा गोंयकार बायलां लेखकांचे संपादीत आनी विविध साहित्या खातीर हो पुरस्कार आसतलो. तशेंच बा. भा. बोरकार काव्याप्रेरणा पुरस्कार - कवितां खातीर आनी सुरेश भट गजल प्रेरणा पुरस्कार - गजल लेखना खातीर अशे दोन पुरस्कार आसात. पुरस्कार नामांकना खातीर दरेकीं पांच रचना धाडू येता.

दूसरो विभाग : मराठी, कोंकणी, हिंदी आनी इंग्लीश ह्या चारय भाशांतल्या साहित्याक हे पुरस्कार दितले. युवा प्रतिभा पुरस्कारा खातीर १८ ते २५ वर्सां

पिरायेच्या गोंयकार लेखक  तशेंच, अठरा वर्सां पिराय गटांतल्या गोंयकार लेखकांचीं उजवाडाक आयिल्लीं पुस्तकां बाल आनी किशोर साहित्य पुरस्कारा खातीर पात्र आसतलीं. हे पुरस्कार दादले आनी बायलां साहित्यीकां खातीर आसात.

IMD 50

पणजेच्या वेधशाळेन नोंद केले प्रमद आज सर्वाधिक तापमान पणजेत 37 डिग्री सेलसीयस आनी किमान तापमान मुरगावत 23.3 डिग्री सेलसीयस आशीलले. हवेतळी आद्रता 76 टक्के आसा. उत्तर आनी   दक्षिण गोंयचे हवामान सुकें आसपाची  शक्यताय आसा आनी चडांत चड तापमान 35-37 अंश सेल्सियस मदीं वाडपांची  खूब शक्यताय आसा.  सकाळीं उथळ ते मध्यम धुकें आसू येता

प्रसाद 170

सुमार 55 लाख रुपया खर्चाच्यो नव्या बशी सीएसआर खाला मॅल्बियो डायग्नोस्टिक्स लिमिटेड, वतीन विवेकानंद विद्या प्रसारक मंडळाक विद्यार्थ्यांक घरांतल्यान शाळेंत व्हरपा खातीर दिल्यात ह्या वेळार जाल्ल्या औपचारीक कार्यावळींत मॉल बायो डायग्नोस्टीक लिमिटेडची संचालक संगीता श्रीराम, अधिकारी संदीप खरे, रंजना दत्ता, विवेकानंद विद्या प्रसारक मंडळाचे सचीव रत्नाकर देसाय, वेवस्थापक मीनानाथ उपाध्ये, विवेकानंद विद्यालयाच्यो प्राचार्य

कल्पना बेहरे, थळावे पंच आनी आदले सरपंच सतीश  नायक आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.. ह्या वेळार उलयतना संगीता श्रीराम हांणी सांगलें की, मॉल बायो डायग्नोस्टिक्स लिमिटेड भलायकी जतनाय क्षेत्रांत बरे तरेन काम करता आनी संवसाराक सगळयांत बऱ्या दर्जाची भलायकी सेवा दिवपाक जाय आशिल्लीं साहित्यां कंपनी तयार करता. मोलबायो कंपनीन तयार केल्लीं कोविड किटां कोविड काळांत फामाद आशिल्लीं आनी नव्या तंत्रगिन्यानाचो उपेग करून भलायकी सेवेच्या मळार क्रांती घडोवन हाडपा खातीर कंपनी येसस्वी  आसा अशें तांणी सांगलें. सीएसआर येवजणे खाला विद्यार्थ्यांक घरांतल्यान शाळेंत व्हरपा खातीर कंपनीन ह्यो बशी संस्थेक  दिल्यात अशें तांणी सांगलें. ह्या वेळार वेवस्थापक मीनानाथ उपाध्ये हानी हाजीर आशिल्ल्यां मनेस्ताची वळख करून दिली  उपकरचे उलोवप  शारिरीक शिक्षण शिक्षक दिलीप नायक हांणी केलें आनी सूत्रसंचलन चितरंजन हांणी केले

आनी इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो. यांचे मुखवेल्यो  प्रादेशिक खबरो तुमका आयकुंक  मेळतल्यो  फाल्या सकाळी सात वरा 25 मिनिटांचेर नमस्कार